26th June 2026 8.40am

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी नेदर्लंडसाची राणी मॅक्सिमा हांची भेट घेवन, भारताच्या डिजिटल भौशीक मुळाव्या साधनसुविधेत जावपी क्रांती, हि अर्थीक सेवा चड सुलभ कशी करता, हाचेर भासाभास केली.
- औद्योगिक आणि व्यावसायिक एलपीजी ग्राहकां खातीर, एक व्हड थाकाय म्हणून, सरकारान 'नॉन-डोमेस्टिक पॅक्ड एलपीजी'च्या पुरवठ्यावेले, सगळे क्षेत्रीय निर्बंध काडल्यात आणि पुरवण पूर्ववत केल्या.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या म्हयन्याच्या 27 ते 29 मेरेन, सेशेल्सच्या भोंवडेर वतले.
- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज नवी दिल्लींत जावपी, नार्को-कोऑर्डिनेशन सेंटराच्या, धावे उंचेल्या पावडयावेले बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले.
- आयसीसी बायलांच्या टी-20 विश्वचषकांत, काल रातीं इंग्लंडांतल्या मॅनचेस्टरांत जाल्ल्या अ गटांतल्या मॅचींत, भारतान बांगलादेशाक पांच विकेटींनी हारयलो.

पीएम राणी मॅक्सिमा -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी नेदर्लंडसाची राणी मॅक्सिमा हांची भेट घेवन , भारताची डिजिटल भौशीक मुळाव्या साधनसुविधेत जावपी क्रांती, हि अर्थीक सेवा चड सुलभ आनी परवडपी कशी करता, तेच बरोबर जीणेचो दर्जो वाडोवन लोकांक सशक्त कसो करता, हाचेर भासाभास केली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें की, नेदर्लंडसाची राणी मॅक्सिमा, जी आर्थिक भलायके खातीर संयुक्त राष्ट्रांच्या सरचिटणीसांची खासा दूत आसा, तिची भेट घेवन खोशी जाल्या. या भेटी दरम्यान, भारताच्या 'डिजिटल भौशिक सुविधांचेर आधारित क्रांतीक लागुन, आर्थिक सेवा कशो सुलभ आणि परवडपी जाल्यात, तसेच 'जीवन सुलभता' कशी वाडल्या आणि ताकालागून व्हडा प्रमाणार लोकांचे सक्षमीकरण कशे जाता, हाचेर चर्चा जाली. संवसारभरांतल्या भागीदार देशांक आपलो अणभव सांगपाक भारत कटिबद्ध आसा, अशेय प्रधानमंत्र्यांनी सांगले.

गॅस रेट -

औद्योगिक आणि व्यावसायिक एलपीजी ग्राहकां खातीर, एक व्हड थाकाय म्हणून, सरकारान 'नॉन-डोमेस्टिक पॅक्ड एलपीजी'च्या पुरवठ्यावेले, सगळे क्षेत्रीय निर्बंध काडल्यात आणि पुरवण हि, पश्चिम आशिया संकटा आदी आशिल्ले प्रमाण पूर्ववत केल्या. पेट्रोलियम आणि सैमिक वायू मंत्रालयान एका निवेदनात म्हणला की, संकट सुरू जाताच, बंद केल्या 'बल्क एलपीजीची पुरवण' हि आता संकटपूर्व वापराच्या ५० टक्क्यां मेरेन शिथिल केल्या, जाका लागुन व्यावसायिक आणि औद्योगिक ग्राहकांक व्हड थाकाय मेळल्या. एलपीजी पुरवठ्याच्या परिस्थितीत हालीच जाल्ली सुधारणा लक्षात घेऊन, हो निर्णय घेतला.

मोदी सेशेल्स -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या म्हयन्याच्या 27 ते 29 मेरेन सेशेल्सच्या राष्ट्रीय दिसाच्या भांगरा महोत्सवाक, मानाचे सोयरे म्हूण भोंवडेर वतले. प्रधानमंत्री हाचे आदीं 2015 वर्सा सेशेल्साक गेल्ले. ह्या सुवाळ्याक भारतीय संरक्षण दळाचो एक पंगड, भारतीय नौदलाच्या दोन तारवां वांगडा वांटो घेतले, अशें परराश्ट्र मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां. ह्या भेटी वेळार प्रधानमंत्री मोदी, सेशेल्सचे राष्ट्र्ध्यक्ष डॉ. पॅट्रिक हर्मिनी कडे चर्चा करतले. प्रधानमंत्री सेशेल्सच्या राश्ट्रीय सभेंत उलयतले आनी भारतीय समुदायाकडेन लेगीत संवाद सादतले.

गृहमंत्री अमित शाह -

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज नवी दिल्लींत जावपी, नार्को-कोऑर्डिनेशन सेंटराच्या, धावे उंचेल्या पावडयावेले बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले. घुंवळी वखदां नियंत्रण ब्युरोन आयोजीत केल्ल्या हे बसकेंत केंद्रीय मंत्रालयां, राज्य सरकार, आनी ड्रग्स कायदो अंमलबजावणी एजन्सी हांचे प्रतिनिधी एकठांय येवन, देशभरांतल्या घुंवळी वखदां वेव्हार आनी दुरुपयोगाक आडावपाचे यत्न घटमूट करतले. ह्या संदर्भात मंत्री शाह

वेगवेगळ्या भागधारकां कडेन विस्तारान चर्चा करून तयार केल्लो, घुंवळी वखदां नियंत्रण 2026-2029 चो व्हिजन डॉक्युमेंट जाहीर करतले. तशेंच गृहमंत्री एन.सी.बीचो वर्सुकी अहवाल 2025 जाहीर करतले आनी जम्मू-गुवाहाटींत नव्यान बांदिल्ल्या एन.सी.बीच्या विभागीय कार्यालयांचें उक्तावण करतले.

Brics Manohar Lal Khattar –

भारतान हरियाणातल्या गुरुग्राम हांगा आपल्या 'ब्रिक्स' अध्यक्षपदांतर्गत ११व्या 'ब्रिक्स' ऊर्जा मंत्र्यांच्या बसकेचे आयोजन केला. ऊर्जा मंत्रालयाने सांगले की, या बसकेत 'ब्रिक्स' सदस्य देशांचे ऊर्जा मंत्री, उपमंत्री आणि वरिष्ठ अधिकारी एकठांय आयले आनी जागतिक स्तरावेली प्रमुख आव्हानां आणि ऊर्जा क्षेत्रातले सहकार्य घटमूट करपीविशी चर्चा केली. तसेच ऊर्जा सुरक्षा, शाश्वतता, नाविन्यपूर्ण उपक्रम आणि क्षमता बांधणी या क्षेत्रांतल्या सहकार्याचो पुनरुच्चार करपी, ११व्या ब्रिक्स ऊर्जा मंत्र्यांचे संयुक्त निवेदन स्वीकारून, या बसकेची सांगता झाली. बसकेत उलयताना केंद्रीय ऊर्जा मंत्री मनोहर लाल हांणी म्हणले की, आर्थिक विकास, सामाजिक प्रगती आणि मानवी विकासा खातीर ऊर्जा हो एक मूलभूत घटक आसा.

संविधान हत्या -

काल 'संविधान हत्या दिस' पाळलो. २५ जून १९७५ राक जेन्ना, भारताच्या संविधानाची पायमल्ली जाली, तेन्ना घडील्या घडणुकांची याद करून दिवपी हो दिस. उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन, प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आणि गृहमंत्री अमित शाह हांणी आणीबाणीच्या काळात, लोकशाय मूल्यांच्या रक्षणाखातीर, ठामपणान उभे राविल्या सगळ्यांक श्रद्धांजली ओपली. सोशल मीडियार एका पोस्टात प्रधान मंत्री मोदींनी म्हटले की, आणीबाणी हो संविधानाचेर जाल्लो थेट हल्लो आशिल्लो. तत्कालीन प्रधानमंत्री इंदीरा गांधी हाणी लागु केल्ली आणीबाणी विशी, मंत्री शिवराज सिंह हांणी सांगले, कि

पासपोर्ट शुल्क -

सरकारान पासपोर्ट अर्जाच्या शुल्कात वाढ केल्या. आता ३६ पानांचो नवीन पासपोर्ट वा पासपोर्टचे नूतनीकरण करपाक २ हजार ५०० रुपया लागतले. 'पासपोर्ट (दुरुस्ती) नियम, २०२६ हो १ जुलैपासून लागू जाता. परराष्ट्र मंत्रालयान जारी केल्या अधिसूचने प्रमाण, नवीन शुल्क रचनेअंतर्गत 'तत्काळ' सेवे वरवी नवीन पासपोर्ट वा पासपोर्टचे नूतनीकरण करपाक ५ हजार रुपया शुल्क आकारतले. ६० पानांच्या सामान्य पसपोर्ट टाक वा त्याच्या नूतनीकरणाक ३,५०० रुपये शुल्क आसतले आणि 'तत्काळ' सेवे खातीर हे शुल्क ६,००० आसतले.

किरेन रिजिजू Goa -

केंद्रीय अल्पसंख्याक आनी संसदीय वेव्हार मंत्री किरण रिजिजू हांणी काल गोंयांत, अल्पसंख्याक कल्याण योजनांविशीं चड जागरूकताय करपाची आनी ताचो लाभ घेवपाची गरज उक्तायली. दक्षिण गोंयांतल्या केळशी हांगा गोंय राज्य अल्पसंख्याक वित्त आनी उदरगत महामंडळ वतीन आयोजीत केल्ल्या कार्यावळीत, 'नॅशनल माय-नॉरिटीज डेव्हलपमेंट अँड फायनान्स कॉर्पोरेशनच्या' लाभार्थ्यां वांगडा तांणी संवाद सादलो. गोंयांतल्या अल्पसंख्याक कल्याण योजनांचो आढावो घेवपा खातीर आनी लाभार्थ्यां कडल्यान थेट अभिप्राय मेळोवपा खातीर, हो लाभार्थी संवाद आयोजीत केल्लो. यावेळार उलयताना रिजिजू हांणी सांगलें की, ग्राउंड रीऑलिटी आनी लाभार्थ्यांच्यो अडचणी समजून घेवपा खातीर तांणी, ल्हान आनी संवादात्मक सत्राची निवड केल्या. अल्पसंख्याक कल्याण आनी पायाभूत सुविधा विकासा खातीर मंत्रालयाची फ्लॅगशिप येवजण 'प्रधान मंत्री जन विकास कार्यक्रम' ची गोंयांत चड अंमलबजावणी आनी जागरूकताय निर्माण करपा खातीर राज्य सरकारा वांगडा चर्चा करतले, अशें मंत्री रिजिजू हांणी सांगलें.

आयसीसी बायलां -

आयसीसी बायलांच्या टी-20 विश्वचषकांत, काल रातीं इंग्लंडांतल्या मॅनचेस्टरांत जाल्ल्या अ गटांतल्या मॅचींत, भारतान बांगलादेशाक पांच विकेटींनी हारयलो. पयली फलंदाजी करपाची निवड करून बांगलादेशान थारायिल्ल्या 20 ओव्हरींनी, 8 बाद 136

धांवड्यो केल्यो. भारता खातीर राधा यादवान तीन, जाल्यार श्रीचरणी हांणी दोन विकेटी घेतल्यो. ताका जाप दितना, भारतान 16 पूज्य 5 ओव्हरींनी 5 विकेटी व्हागडावन हे लक्ष्य पुराय केले.

हवामान -

भारतीय हवामान खात्यान आयज उप हिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम, बिहार, दर्यादेगेचो आंध्र प्रदेश, दर्यादेगेवेलो कर्नाटक, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, नागालँड, मणिपूर, मिजोरम आनी त्रिपुरा वाठारांत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. फुडल्या दोन ते तीन दिसांत दिल्ली, झारखंड, ओडिशा, पंजाब, हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, अस्तंत बंगाल, उत्तराखंड, विदर्भा आनी अस्तंत राजस्थान वाठारांत वीज आनी वादळां संयत, गडगड मारपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. तशेंच आयएमडीन, झारखंड आनी उदेंत उत्तर प्रदेशात एकसुरे सुवातेर उश्णताय ल्हारांची शक्यताय उक्तायल्या.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी नेदर्लंडसाची राणी मॅक्सिमा हांची भेट घेवन, भारताच्या डिजिटल भौशीक मुळाव्या साधनसुविधेत जावपी क्रांती, हि अर्थीक सेवा चड सुलभ कशी करता, हाचेर भासाभास केली.

- औद्योगिक आणि व्यावसायिक एलपीजी ग्राहकां खातीर, एक व्हड थाकाय म्हणून, सरकारान 'नॉन-डोमेस्टिक पॅक्ड एलपीजी'च्या पुरवठ्यावेले, सगळे क्षेत्रीय निर्बंध काडल्यात आणि पुरवण पूर्ववत केल्या.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या म्हयन्याच्या 27 ते 29 मेरेन, सेशेल्सच्या भोंवडेर वतले.

- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज नवी दिल्लींत जावपी, नार्को-कोऑर्डिनेशन सेंटराच्या, धावे उंचेल्या पावडयावेले बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले.

- आयसीसी बायलांच्या टी-20 विश्वचषकांत, काल रातीं इंग्लंडांतल्या मॅनचेस्टरांत जाल्ल्या अ गटांतल्या मॅचींत, भारतान बांगलादेशाक पांच विकेटींनी हारयलो.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले, आयज सांजे ६ वरा जावन ३० मिनटांचेर. नमस्कार!